*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

**<u>शेतकारांनी कृषी येवजणांचो लाव घेवपाचो मुख्यमंत्र्याचो उलो</u>**

ता. 07 ऑक्टोबर 2019

शेतकारांनी कृषी संचालनालय आनी बागायत महामंडळाच्या येवजणांचो लाव घेवन आपलो शेती वेवसाय फायदेशीर करपाचो उलो मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल नुवें हांगा आयोजीत कार्यक्रमात शेतकारांच्या मागण्यांचेर उलयताना मारलो.

कार्यक्रमाक नुवेंचे आमदार श्री. विल्फ्रेड डिसा, अतिरिक्त जिल्ल्याधिकारी श्री. प्रसन्ना आचार्य, कृषी संचालक श्री. माधव केरकर, नुवें मतदारसंघातल्या ग्रामपंचायतींचे सरपंच आनी पंच वांगडी हजर आशिल्ले.

शेतकारांक ट्रॅक्टर, बियाणे, सारे आनी शेत लागवडी खातीर लागपी हेर साहित्य खरेदी करपाक सरकार अनुदान दिता म्हणपाचे सांगून मुख्यमंत्र्यान अशा येवजणांचो फायदो घेवन शेतकारांनी आपले शेती उत्पादन वाडोवपाक सांगलें.

मुख्यमंत्र्यान माजोर्डेच्या पशुचिकित्सा दवाखान्याक पुर्णवेळ डॉक्टर दिवपाचेय उतर ह्या वेळार शेतकऱ्यांक दिले.

मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार लोकांच्यो विकास कामांविशीं मागण्यों आयकून घेतल्यों. उपस्थीत लोकांनी सीमेत्रीची दुरूस्ती, स्कुल, रस्ते, पशुचिकित्सा सेवा आनी हेर विकास कामांविशीं समस्यां मांडल्यों.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तूकीं नुवें मतदारसंघातल्या पुरग्रस्तांक मदत भेटयली.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/670

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA

-

-